**मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं फोंडा हांगा नवीन नागरी पुरवण कार्यालयाचे उक्तावण**

ता. 11 मार्च 2026

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं आयज फोंडा हांगाच्या कृशी बाजार संकुलात नवीन फोंडा तालुका नागरी पुरवण कार्यालयाचे उक्तावण जालें. तशेंच मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार प्रधानमंत्री गरीब कल्याण अन्न येवजणे खाला सवाय धान्य दुकानदारांक 3.17 कोटी रूपया कमिशन वितरीत केले.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सवाय धान्य दुकानदार प्रधानमंत्री गरीब कल्याण अन्न येवजण, मुख्यमंत्री सवाय धान्य दुकान उपक्रम आनी नागरी पुरवण खात्याच्या हेर येवजण्यांचो लाव लोकांक दिवपाची सेवा करतात आनी लोकांक अन्न सुरक्षेची खात्री दिवपाक म्हत्त्वाचे योगदान दितात, अशें सांगून सवाय धान्य दुकानदारांक सरकाराकडल्यान सतत सहकार्य करपाचे आनी फुडारांत तांचे कमिशन वाडोवपाचे उतर दिले.

भौशीक वितरण वेवस्थेचे आधुनिकीकरण करपाच्या प्रयत्नांचो उल्लेख करून मुख्यमंत्र्यांन भौशीक वितरण सेवा सुदारपा खातीर अनेक उपक्रम सुरू केल्ल्याचे सांगलें. तातूंत अन्नधान्य घराकडेन पावोवप, स्मार्ट रेशन कार्ड आनी म्हालवाहन ट्रॅकिंग सिस्टम अशां उपक्रमांचो आस्पाव आसा. इलेक्ट्रॉनिक वजनकाटो, एलपीजी सिलिंडर रिफिलिंग खातीर मुख्यमंत्री अर्थिक सहाय्य अशां येवजणांचोय तांणी उल्लेख केलो. गोंय सरकार एलपीजी सिलिंडरची पुरवण सतत चालू दवरपाक वचनबद्ध आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

कार्यक्रमाक फोंडा नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष विरेंद्र ढवळीकर, आदले खासदार नरेंद्र सावईकर, नागरी पुरवण खात्याचे सचीव, नागरी पुरवण संचालक, जिल्हा पंचायत सदस्य प्रीतेश गावकर, सवाय धान्य दुकानदार आनी नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याचे हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/173

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.